आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date :24 /01/2025

राष्ट्रीय खबरो

6.30 PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत प्रजासत्ताक दिस सुवाळ्यात वांटेकार जावपी एनसीसी कॅडेट, राष्ट्रीय सेवा येवजणेचे स्वयंसेवक, आदिवासी सोयऱ्यांक मेळटले. चित्ररथ कलाकारा वांगडा संवाद सादतले. तेखातीर प्रधानमंत्री निवासस्थान लोक कल्याण मार्ग हांगा कार्यावळ घडोवन हाडल्या. ह्या सुवाळ्यात सांस्कृतीक विविधताय आनी लश्करी ताकीचे प्रदर्शन जातले. तशेच संविधानाच्या 75व्या वर्धापन दिस आनी लोकांच्या सहभागाचेर एक कार्यावळ जातली .

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी आयज नवी दिल्लींत झुजावाठार पळोवणी प्रणाली – संजयचें उत्तावण केलें. भारतीय लश्करांत ही प्रणाली अंनू मार्चसावन तीन पावंडयार चालिक लायतले . जमनीवयल्या शिमेचेर नियंत्रण दवरपाक, घुसखोरी आनी हल्ले आडावपाक आनी झुजाचे परिस्थितीचें अचूक विश्लेशण करपाक,तशेच सैन्याची गुप्तचर आनी पळोवणी क्षमतावाडोवपाक ही प्रणाली व्हड मदत करतली. भारतीय लश्कर आनी भारत इलॅक्ट्रॉनिक्स लिमिटेड हे संस्थेच्या जोडपालवान संजय प्रणाली विकसीत केल्या. कर्तव्य पथाचेर जावपी प्रजासत्ताक दिस परेडांत संजय प्राणाली मुखेल आकर्शण थारतली.

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हाणी भारतरत्न कर्पूरी ठाकुर हाणी आपलें पुराय जिवीत समाजीक न्याया खातीर ओंपलें अशे तांच्या 101व्या जयंती निमतान बिहारांतल्या समस्तीपूरांत जाल्ल्या कार्यावळीक सांगले. कर्पूरी ठाकुर हाणी बिहारांत समाजीक न्याया खातीर आरक्षणाची अंमलबजावणी, आवयभाशेंतल्यान शिक्षण आनी आंतरजातीय लग्नाक चालना दिली अशे उपराष्ट्रपतीनी म्हळा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी बिहाराचे आदले मुख्यमंत्री भारतरत्न कर्पूरी ठाकुर हांकां तांच्या जयंती निमतान आरगा ओपल्ल्यात. कर्पूरी ठाकुर हांचे जिवीत आनी आदर्श देशांतल्या दरेक पिळगेक प्रेरणा दितले अशें तांणी सांगलें.

केंद्रीय म्हायती आनी प्रसारण राज्यमंत्री डॉ. एल मुरूगन हाणी पुडुचेरी विद्यापिठांत संमोहनशास्त्रा विशींच्या आंतरराष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण केले. सरकार नवी दिल्लीत बेगीनच संवसारीक थिरूकुरल परिषद घडवोन हाडपाखातीर नेटान तयारी करता अशी म्हायती तांणी दिली. तिरुक्कुरालाची जादू सासणाची आसा आनी हे संवसारांतलें एक उत्कृश्ट पुस्तक आसा अशे ताणी सांगलें. डॉ मुरुगन हाणी टंगस्टन खण प्रकल्पाक आळाबंदा हाडपा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीचे उपकार मानले.

मुखेल वेंचणूक आयुक्त राजीव कुमार हांणी आयज बायोमेट्रीक मतदान पद्दतीलागून बोगस मतदान आनी एका परस चड मतदानाच्यो घडणुको खूब उण्यो जाल्यात अशें सांगलें. इलॅक्ट्रॉनीक मतदान पद्दतीन मतदानाची गती वाडोवपाक, मनशाच्यो चुको उण्यो करपाक आनी मतमेजणी प्रक्रिया घटमूट करपाक मजत जाल्या अशे आयज नवी दिल्लींत वेंचणूक आयोगान आयोजीत केल्ल्या दोन दिसांच्या परिशदेत तांणी सांगले .

चलयांचे हक्क, शिक्षण, भलायकी, आनी सुरक्षे कडेन समाजाचें लक्ष केंद्रीत करपाहेतान आयज देशभरांत राष्ट्रीय चली दीस मनयतात. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी चलयांक सशक्त करपा सयत तांकां वेगवेगळी संद दिवपाची सरकाराची वचनबद्धताय परतून उक्तायली." पर्जळीत फुडारा खातीर चलयांक सशक्त करप" हो ह्या वर्साच्या राष्ट्रीय चली दिसाचो विशय आसा.

फुडल्या म्हयन्याच्या 5 फेब्रुवारीक जावपी दिल्ली विधानसभा वेंचणुकेखातीरच्या प्रचाराक नेट आयला.  सगळया मुखेल पक्षांचे फुडारी रोडशो, भौशीक बसका, आनी घराघरा वचून प्रचार करपाचेर भर दितात .

भारत उदका संवर्धना वांगडाच ह्या क्षेत्रांत क्रांतीकारी बदल घडोवन हाडटा अशें केंद्रीय जल शक्ति मंत्री सीआर पाटील हांणी सांगलां. दावोसांतल्या संवसारीक अर्थीक मंचाच्या भारतीय मंडपात आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत ते उलयताले. देश उदका संसाधन घटमूट करपाखतीर यत्न करता तशेच टिकावू उदका वेवस्थापनाचे संवसारीक मानकय थारायता अशे तंणी म्हळा .

केंद्रीय शार वेव्हार आनी ऊर्जामंत्री मनोहर लाल हांणी आयज तेलंगणाच्या करीमनगरांत उदका पुरवण प्रकल्पाचें उक्तावण केलें. ह्या प्रकल्पा वरवीं 24 वरां पिवपाच्या उदकाची पुरवण जातली.

40 महाराष्ट्रांतल्या भंडारा जिल्ह्यात आयज आयुध कारखान्यांत जाल्ल्या स्फोटात 1ल्याक मरण आयले आनी 7 जाण जखमी जाल्यात. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी हे घडणुकीचेर दुख्ख उक्तायलां. थंय बचाव पंगड तैनात केल्यात आनी बाधित लोकांक मजतीखातीर सगळे यत्न सुरू आसात अशें तांणी सांगलें.

केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळां राज्यमंत्री रक्षा खडसे हांणी आयज नवी दिल्लींत पयल्या खो खो विश्वचषकांत भारतीय दादले आनी बायलांच्या खो खो पंगडान इतिहासीक जैत मेळयल्ल्या खातीर परबीं दिली.

उत्तर भारतात थंडी उणी जावन तापमानात वाड जाल्या कारणंन धुकें खूब उणें जालां अशे भारतीय हवामान खात्यान सांगला. फुडले दोन दीस दिल्लीत थंडी आसतली पुण दिल्ली-एनसीआर वाठारांत धुकें पातळपाची शक्यताय ना अशें आयएमडीचे वरिश्ठ शास्त्रज्ञ डॉ आरके जेनामणी हांणी सांगलें तशेच फुडल्या दोन दिसांत उदेंत उत्तर प्रदेश, बिहार, ओडिशात पावस पडपाची शक्यताय आसा.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आकाशवाणी पणजीच्या खबरा विभागाचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर

नमस्कार